वाळपय गोंय मुक्ती दीस मनयलो

पणजीः19 डिसेंबर 2023

पर्येंचे आमदार डॉ. देविया राणे हांणी गोंय मुक्ती दिसा निमतान वाळपयच्या उपजिल्होधिकारी कार्यालयांत राष्ट्रध्वज फडकयलो. ह्या वेळार उलयतना डॉ. देविया राणे हांणें गोंयांत मुक्ती उपरांत विवीध मळांचेर जाल्ली उदरगतीचेर उजवाडा हाडलो. आमच्या सुटके झुजाऱ्यांच्या बलिदानाक लागून आमी स्वातंत्र्य मेळ्ळा आनी दरेका मळार प्रगती करता अशें सांगून तांच्या योगदानाचें स्मरण करपाच्या म्हत्वाच्या येत्नाचेर भर दिलो.
सुटके झुजाऱ्यांक आर्गां ओंपतना डॉ. देविया राणे हांणी सांगलें की कश्टान मेळिल्लें स्वातंत्र्य आमी सांबाळपाक जाय आनी तें शक्य करतल्यांक सलाम करपाक जाय. हीच आमची तांकां खरी श्रद्धांजली". गोंयांत खऱ्या उदरगती खातीर गांव आनी शारां मदलें अंतर पयस करप गरजेचें आसा असो विस्वास तिणें प्रधानमंत्र्यांच्या दृश्टीकोनाक मान्यताय दिली.
सरकारी कल्याण येवजण्यां विशीं उलयतना डॉ. राणे हांणी सगळ्यांक लाव दिवपाचें आनी देशाचे उदरगतींत योगदान दिवपाचें श्रेय तांकां दिलें. एकचाराचेर भर दितना नागरिकांनी जात-पंथाचो विचार करिनासतना हात जोडून एकवटान काम करचें अशें आवाहन तिणें केलें. आमी गोंयचो निसर्ग सैम सांबाळूंक जाय आनी नितळ दवरूंक जाय अशें तिणें आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपूर्ण गोंय हे दृश्टीकोना कडेन जुळोवन सांगलें.

अवर लेडी ऑफ लॉर्डेस हायस्कूल आनी युनिटी हायस्कुलाच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्तीचीं गितां सादर केलीं.

उपजिल्लोधिकारी श्री. प्रवीण हिरे परब; वाळपयचे मामलतदार श्री. दशरथ गांवस; बीडीओ श्री. सूर्याजी राव राणे सरदेसाय ; ह्या वेळार पुलीस अधिकारी आनी नागरीक हाजीर आशिल्ले.

श्री. हरीश कामत हांणें कार्यावळीचें सूत्रसंचालन केलें, जाल्यार वाळपयचे जोड-मामलेदार श्री. विष्णू राणे हांणें उपकाराचे उलोवप केले.

डीआय/एनबी/डीबी/पीएन/यूबी/2023/

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.